राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो 25.09.2025 @ 8.40 am

केंद्रीय मंत्री मंडळान जहाज बांधणी दर्या पर्यावरण आणि हेर जय्त्या पेकेजीक मान्यताय दिल्या

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतात सरक्षन क्षेत्रात कशी प्रगती केल्या हेविशी आमच्या खबरा विभागान सादर केलो  खासा रिपोर्ट

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उत्तर प्रदेश आनी राजस्थानाक भेट दितले

क्रिकेटांत काल दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमाचेर जाल्ले सुपर फोर मॅचींत भारतान बांगलादेशाक 41 धांवड्यांनी हारोवन आशिया कप 2025 च्या फायनलींत प्रवेश केलो.

35

केंद्रीय मंत्रीमंडळान भारताची जहाज बांदणी आनी दर्या पर्यावरण यंत्रणा पुनरुज्जीवित करपा खातीर 69 हजार 725 कोटी रुपयांच्या पॅकेजीक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें,

(byte )

रिपोर्ट 20
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतात सरक्षन क्षेत्रात कशी प्रगती केल्या हेविशी आमच्या खबरा विभागान सादर केलो हो खासा रिपोर्ट derfence innovation

Pm 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उत्तर प्रदेश आनी राजस्थानाक भेट दितले. ग्रेटर नोएडा हांगा उत्तर प्रदेश आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळा-2025 हातूंत तांणी उलोवप करतले आनी आमंत्रण बसकेंत उलोवप करतले. राज्याची वेगवेगळी हस्तकला परंपरा, आधुनीक उपक्रम, उदेंते वटेनचे एमएसएमई आनी राज्यांतले उदेपी उपक्रम हस्तकला, कापड, चामडें, शेती, अन्न प्रक्रिया, आयटी, इलॅक्ट्रॉनिक्स, आनी आयुश, हेर हांचेर भर आसा. वेपार प्रदर्शन ह्या म्हयन्याचे 29 तारखे मेरेन चालू उरतले. उपरांत प्रधानमंत्री राजस्थानाक भेट दितले आनी 1,22,100 कोटी रुपया मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. तशेंच बांसवाड्यांतल्या भौशीक कार्यावळीक ते उलयतले. प्रधानमंत्री कुसुमच्या लावार्थ्यां कडेन मोदी संवाद सादतले.

प्रधानमंत्री राजस्थानांत सुमार 19,210 कोटी रुपया मोलाच्या हरित उर्जा प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्यादी फातर घालतले.

भैरप्पा 110

फामाद कन्नड लेखक डॉ. एस. एल. भैरप्पा हांका काल बेंगळुरूत मरण आयले.वयोमानाक लागुन तांका खाजगी रुग्णालयात दाखल केले थंय तांका काळजाचो आताक आयलो.कन्नड साहित्यातले एक उत्तुंग व्यक्तिमत्व आणि पद्मभूषण पुरस्कार विजेते डॉ. एस. एल. भैरप्पा यांच्या मरणाबद्दल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी शोक व्यक्त केला . सोशल मीडिया पोस्टत राष्ट्रपतींनी म्हणला की त्यांनी साहित्य, तत्वज्ञान, संस्कृती आणि बौद्धिक क्षेत्रात उल्लेखनीय योगदान दिला. प्रधान मंत्री नरेंद मोदि आणि गृहमंत्री अमित शहा हाणी तांच्या मरणाबद्दल दुःख व्यक्त केला सोशल मीडिया पोस्टत शाह म्हणले की, स दसका त्यांनी भारतीय तात्विक परंपरेचे ज्ञान आणि सामाजिक मुद्द्यांवेल्या अंतर्दृष्टीन साहित्य समृद्ध केले.

रिपोर्ट 20

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला फाटल्या 11 वरसातली संरक्षण क्षेत्रातल्या प्रगतीविशी आमच्या खबरा विभागान सादर केलो हो खासा रिपोर्ट derfence export

कळोवनी 30

ही आसा एक कळोवणी - आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर, कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे समपर्क साधचो.

CBSE 50

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ CBSEन फुडल्या वर्सा जावपी 10 वि आनी 12 विच्या बोर्ड परिक्षांची तात्पुरती तारको जाहीर केल्या. फुडल्या वर्सा 17 फेब्रुवारी ते 15 जुलय मेरेन ही परिक्षा जातली. ह्यो तारको तात्पुरती आसात आनी शाळांनी उमेदवारांची निमाणी वळेरी सादर केल्या उपरांत निमाणी तारको जारी करतले

क्रिकेट 20

क्रिकेटांत काल दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमाचेर जाल्ले सुपर फोर मॅचींत भारतान बांगलादेशाक 41 धांवड्यांनी हारोवन आशिया कप 2025 च्या फायनलींत प्रवेश केलो.

ISSF 30

ISSF ज्युनियर वर्ल्ड कप काल नवी दिल्लींत सुरू जालो. आज मुखेल सर्त सुरू जातली. शूटर 50 मीटर रायफल प्रॉन बायलां कनिश्ट आनी 50 मीटर रायफल प्रॉन दादले कनिश्ट सर्तींत वांटो घेतले.

वेदर 45

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ आनी विदर्भांत व्हड ते सामकेच व्हड प्रमाणात पावस पडपाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. तशेंच आयज अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, केरळ, गोंय, लक्षद्वीप, महाराष्ट्र, मराठवाडा, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगणा आनी ईशान्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास दीला.